<u>आकाशवाणी पणजी</u>

<u>प्रादेशिक खबरा विभागा</u>

<u>Panaji Regional</u>

17 Feb 2026 7.20 PM

- प्रशासकीय सेवा online दीवपाच्या हेतान सरकारान chatbot ही यंत्रणा चालीक लायल्या
- कुंकळ्ळी उद्देगिक वसणुके लागसार येवपी नव्या फिशमिल प्रकल्पाक गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळान मान्यताय दिल्या ती फुडल्या धा दिसांभितर फाटल्यान घेवची अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी अाणि कुंकळ्ळीचे आमदार युरी आलेमाव यांनी केल्या
- सरकारी शिरवीशेतल्यान निवृत्त जावपा आशील्ल्या कांय सरकारी कर्मचाऱ्यांक सरकारान निवृत्ती उपरांतचो कार्यकाळ वाडयत राविल्यान शिकील्ल्या आणि पात्र आशील्ल्या तरणाट्यांक संद आसुन लेगीत शिरवीस मेळना. असो आरोप congress पक्षाचे st. cruz मंडळाचे अध्यक्ष john nazareth हांणी केला.
- चिन्मय मिशन पणजी केंद्र 22 फेब्रुवारी 2026 दिसा campal पणजी हांगच्या दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर श्री हनुमान चालीसा हवन आयोजित करतात अशी म्हायती चिन्मय मिशनाचे गोंय मुखेली आनी नामनेचे उद्देजक श्रिनिवास धेंपो हांणी दील्या.

CM RASHMI /GANESH110

प्रशासकीय सेवा online दीवपाच्या हेतान सरकारान chatbot ही यंत्रणा चालीक लायल्या.गोंयच्या डिजिटल प्रवासांतलो हो चॅटबॉट मार्गदर्शक , पारदर्शकता, गती, आनी नागरिक केंद्रीत सेवा वाडयतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

जबाबदार, सुरक्षीत, आनी समावेशक एआय खातीर गोंयची वचनबद्धताय तातूंत दिसून येता. ही यंत्रणा सच्यो लागपी सेवा स्वयंचलीत करतले, कर्मचाऱ्यांचो कामाचे भार उणे करतले, आनी ल्हवू ल्हवू गोवा ऑनलायन पोर्टला वरवीं सगळ्या सरकारी खात्यांत विस्तार करतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींनी एआय

वा हेर तंत्रज्ञाना वरवीं नागरीकांंक केंद्रीय सेवा दिवपाचो उलो मारला. गोंयांत अशो सेवा सुरू जाल्ल्याचो आमकां अभिमान आसा. जापसालदार आनी सुरक्षीत एआय सेवा दिवपा खातीर आमी कटिबद्ध आसा, अशेंं मुखेलमंंत्री डॉ. प्रमोद सावंंत हांंणी सांंगलें.

पुराय सपत्क चोवीसुय वरा सेवा दीवपी ही यंत्रणा तंत्रज्ञान चालीक लायिल्ल्या ई-गव्हर्नन्सांत एक आदर्श थारतले अशे, म्हायती तंत्रगिन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्यावेळार  म्हणला.

सुशांत 80

कुंकळ्ळी उद्देगिक वसणुके लागसार येवपी नव्या फिशमिल प्रकल्पाक गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळान कन्सेट टू ऑपरेट ही मान्यता दिल्या ती फुडल्या धा दिसांभितर फाटल्यान घेवची अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी अाणि कुंकळ्ळीचे आमदार युरी आलेमाव यांनी केल्या. अायज या प्रक़ल्पाक विरोध करपी सुमार १०० आंदोलक युरी आलेमाव हांचे कडेन आयिल्ले. ह्या प्रकल्पाखातीर गावात प्रदुषण जावपाक शकता. त्या खातीर ते विशीं आवाज उठोवचो अशी तांणी मागणी केली. ह्या  प्रकल्पाक लागून लोकांक बाधिकार जावंक शकता. ते खातीर ताका दिलले  सगळे  परवाने फाटी घेवचे  ह्याखातीर आपूण सरकाराकडेन उलयतलो अशें आलेमाव हांणी सांगलें.

GSSC गणेश 140

राज्य कर्मचारी भरती आयोगा वतीन लॅबोरेटरी असिस्टंट, ज्युनियर रीसर्च असिस्टंट आनी हेर पदां खातीर पयली सीबीटी परिक्षा athavis  फेब्रुवारी आनी १ मार्चाक जातली. आयोगान परीक्षेची सुवात तशेंच परीक्षेचें वेळापत्रक जाहीर केलां. लॅबोरेटरी असिस्टंट, फिशरीज surveyor , ज्युनियर geo logistic ह्या पदां खातीर आयोगान ५ डिसेंबर २०२५ दिसा जायरात दिल्ली. लॅबोरेटरी टेक्निशियन, लॅबोरेटरी असिस्टंट, ज्युनियर रिसर्च असिस्टंट आनी  फिशरीज सर्वेयर पदां खातीरी २८ फेब्रुवारी २०२६ दिसा परीक्षा जातली. उत्तर गोंयांत आग्नेल इनिस्टट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी, आसगांवां परिक्षा जातली. दक्षीण गोंयांत डॉन बॉस्को

कॉलेज ऑफ इंजीनीअरींग, फातोर्डा, रोजरी कॉलेज, नावेली आनी नॅशनल इनिस्टट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी, कुंकळ्ळयां परिक्षा जातली.

असिस्टंट सुपरीडेंट ऑफ फिशरीज, इन्स्पेक्टर लीगल मेट्रोलॉजी, ज्युनियर जीओलॉजिस्ट, असिस्टंट केमिस्ट, असिस्टंट archivist, आणि इन्वेस्टिगेटर पदा खातीर १ मार्च २०२६ दिसा परिक्षा जातली. उत्तर गोंयांत आग्नेल इनिस्टट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी, आसगांवां आनी सेंट झेवियर महाविद्यालय, धुळेरांत परिक्षा जातली. दक्षीण गोंयांत डॉन बॉस्को कॉलेज ऑफ इंजीनीअरींग, फातोर्डा, रोजरी कॉलेज, नावली आनी नॅशनल इनिस्टट्यूट ऑफ टेक्नोलॉजी, कुंकळ्ळयां परिक्षा जातली.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान ayktaat

JOHN RASHMI 110

सरकारी शिरवीशेतल्यान निवृत्त जावपा आशील्ल्या कांय सरकारी कर्मचाऱ्यांक सरकाराण निवृत्ती उपरांतचो कार्यकाळ वाडयत राविल्यान शिकील्ल्या आणि पात्र आशील्ल्या तरणाट्यांक संद आसुन लेगीत शिरवीस मेळना.तशेंच सरकारी कर्मचाऱ्यांची बढटी जायना असो आरोप congress पक्षाचे st. cruz मंडळाचे अध्यक्ष आनी आदले गोय सरकारी कर्मचारी संघटनेचे अध्यक्ष john nazareth हांणी केला. पणजे आझाद मैदानाचेर घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.

गोंयात बेरोजगारी वाडटा.तरणाटे निरशेल्यात,जाल्यार बरे काम करपीकर्मचाऱ्यांचेर अन्याय जाता अशे तांणी म्हळा. फुडल्या 15 दीसा भितर अशा कर्मचाऱ्यांक सरकिरान जर सेवेतल्यान काडले ना जाल्यार अशा अधिकाऱ्यांक घेराव घालतले अशी शिटकावणी john nazareth हांणी दील्या.अशा सरकारी अधिकाऱ्यांच्या नावांची म्हायती दीवन तांका सेवेतल्यान निवृत्ती दीवची अशी मागणी करपी पत्र आपणे मुखेलमंत्र्याक बरयला अशीय म्हायती तांणी दील्या.

DIVYANG SUBHASH 100

दिव्यांग विद्यार्थ्यां खातीर आशिल्ल्या उच्च शिक्षणा खातीर सुदारीत शिश्यवृत्ती येवजणेची अधिसुचोवणी जारी जाल्या. सुमार 4500 वेगवेगळ्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक हाचो लाव जातलो. णववी ते पदव्युत्तर आनी वेवसायीक अभ्यासक्रम तशेंच संगीत आनी हेर अभ्यासक्रमां खातीरुय ताचो लाव घेवंक मेळटलो.

राज्य अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण, पोरन्या येवजणेच्या जाग्यार ही नवी येवजण चालीक लायल्या. अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत दिवन उच्च शिक्षण आनी वेवसायीक प्रशिक्षण घेवपाक प्रोत्साहन दिवप हो हे येवजणेचो मुखेल हेत आसा. 40 टक्के वा चड अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक हे येवजणेचो लाव मेळटलो. कुटुंबाचें वर्सुकी उत्पन्न 8 लाख रुपया परस चड आसूंक फावना. विद्यार्थ्या कडेन udid कार्ड, आधार कार्ड आनी आधारा कडेन जोडिल्लें बँक खातें आसपाक जाय.

RASHMI CHINMAY 100

चिन्मय मिशन PANCHATTRAव्या वर्साच्या म्हणल्यारूच अमृत उत्सवाचो एक भाग म्हूण मिशनाचे जागतीक मुखेली स्वामी स्वरूपानंद हांणी देशातल्या वेगवेगळ्या केंद्रांनी वेगवेगळे कार्यावळी आयोजीत केल्यात. हांतुल्ली प्रमुख कार्यावळ म्हणल्यार चोपपन  कुंड समष्टी हनुमान चालीसा हवन.गौयांतुय ही कार्यावळ जातली अशी म्हायती चिन्मय मिशनाचे गोंय मुखेली आनी नामनेचे उद्देजक श्रिनिवास धेंपो हांणी पणजे आयोजीत पत्रकार परीशदेत दील्या. चिन्मय मिशन पणजी केंद्र 22 फेब्रुवारी 2026 दिसा सकाळीं 8 ते दनपारां देड मेरेन campal  पणजी हांगच्या दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर श्री हनुमान चालीसा हवन आयोजित करतात .

SPORTS 90

गोंयचो आंतरराष्ट्रीय मास्टर नितीश बेलुरकार हाणें दोन दिसांची दुर्गा मोटर्स रॅपीड रेटेड बुध्दिबळ सर्त-2026 जिखली. ही सर्त रोटरी क्लब ऑफ पर्वरी AANI बांबोळीच्या डॉ. के. बी. हेडगेवार हायस्कुलांत आयोजीत केल्ली. तिसवाडी तालुका बुध्दिबळ

संघटना आनी गोवा बुध्दिबळ संघटना  हांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या वर्सुकी सर्तीत 260 खेळगड्यांनी वांटो घेतिल्लो.

वेदर  30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान चवतीस पूज्य सात डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान वीस पूज्य आठ डिग्री सेल्सिअस नोंद  जाला. राज्यात वातावरण सुके आसतले शे हवामान खात्यान कळयला

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- प्रशासकीय सेवा online दीवपाच्या हेतान सरकारान chatbot ही यंत्रणा चालीक लायल्या
- कुंकळ्ळी उद्देगिक वसणुके लागसार येवपी नव्या फिशमिल प्रकल्पाक गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळान मान्यताय  दिल्या ती फुडल्या धा दिसांभितर फाटल्यान घेवची अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी अाणि कुंकळ्ळीचे आमदार युरी आलेमाव यांनी केल्या
- सरकारी शिरवीशेतल्यान निवृत्त जावपा आशील्ल्या  कांय सरकारी कर्मचाऱ्यांक सरकारान  निवृत्ती उपरांतचो कार्यकाळ वाडयत राविल्यान शिकील्ल्या आणि पात्र आशील्ल्या तरणाट्यांक संद आसुन लेगीत शिरवीस मेळना. असो आरोप congress पक्षाचे st. cruz मंडळाचे अध्यक्ष john nazareth हांणी केला.
- चिन्मय मिशन पणजी केंद्र 22 फेब्रुवारी 2026 दिसा campal  पणजी हांगच्या दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर श्री हनुमान चालीसा हवन आयोजित करतात अशी म्हायती चिन्मय मिशनाचे गोंय मुखेली आनी नामनेचे उद्देजक श्रिनिवास धेंपो हांणी दील्या.